आकाशवाणी पणजी

राष्ट्रीय खबरा

Date: 15/10/2025 6.30 PM

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्या आंध्र प्रदेशाक भेट दितले. ते नंदयाल जिल्ह्यायातल्या श्रीशैलम हांगासरल्या श्री भ्रामरम्बा मल्लिकार्जुनस्वामी वर्ला देवस्थानम हांगा प्रार्थना करतले. प्रधानमंत्री मोदी श्री शिवाजी स्फूर्ती केंद्राक लेगित भेट दितले. फाल्या दनपारा प्रधानमंत्री कुर्नूलात १३हजार ४३० कोटी रुपयांच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचे उक्तावण आनी बुनियादी फातर बसयतले. हे प्रकल्प उद्देग, वीज वितरण, रस्ते, रेल्वे, संरक्षण उत्पादन, पेट्रोलियम आनी सैमिक वायू क्षेत्रांकडेन संबंधित आसात. प्रधानमंत्री हेवेळार एका जाहीर सभेत लेगित उलोवप करतले.

75

केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी आयज उत्तर कर्नाटकांतल्या कोप्पलात शेतकार प्रशिक्षण आनी सुविधा केंद्राचें उक्तावण केलें. अन्न प्रक्रिया आनी आधुनीक शेती तंत्रांत शेतकार उत्पादक संघटना आनी हेरांक ह्या केंद्रांतल्यान मजत जातली अशें ताणी म्हटला. केंद्रांतल्यान 840 मेट्रीक टन आंबे आनी 600 मेट्रीक टन पपई प्रक्रिया करपाक मेळटा, तातूंतल्यान सुकी पिठो, रोस आनी लगदो तयार जाता अशी म्हायती ताणी दिली. हे उत्पाद एफएसएसएआय प्रमाणीत आसात आनी शारी बाजारांत उपलब्ध आसतले. हाका लागून शेतकारांचें उत्पन्न वाडोवपाकय मजत जातली अशें ताणी सांगलें.

30

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू, उपराष्ट्रपती सी.पी. राधाकृष्णन आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज नामनेचो शास्त्रज्ञ, भारत रत्न आनी आदले राष्ट्रपती डॉ. ए पी जे अब्दुल कलाम हांका त्यांच्या जयंती निमतान आरगा ओपल्यात .हे निमतान प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें

65

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी माजी सैनिक आनी तांच्या कुटुंबांक अर्थीक मजत दुपेटीन वाडोवपाच्या निर्णयाक मान्यताय दिल्या. पेन्शन मेळनाशिल्ल्या पोरन्या माजी सैनिकांक वा येणावळ नाशिल्ल्या तांच्या विधवा बायलांक माजी सैनिक कल्याण खात्यान दिल्लें म्हयन्याक 4 हजार रुपया अनुदान आतां 8 हजार रुपया मेरेन वाडयलां. तेच प्रमाण

भुरग्यांच्या शिक्षणाक आनी लग्नाक दिल्लें अनुदानय दुपेटीन वाडयलां. 1 नोव्हेंबर उपरांत केल्ल्या अर्जांक हो निर्णय लागू जातलो अशें संरक्षण मंत्रालयाच्या निवेदनांत म्हणलां.

30

केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी आयज नवी दिल्लींतल्या भारत मंडपात  सोळावें आंतरराष्ट्रीय रेल्वे उपकरण प्रदर्शनाचें उक्तावण करतना ताणी सांगले कि 15 देशांतल्या 450 परस चड उद्देजकांनी ह्या प्रदर्शनांत वांटो घेतला

70

केंद्रीय विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंत्री जितेंद्र सिंग हाणी आयज केरळांतल्या तिरुवनंतपुरमांत विद्युत स्वास्थ्य उपक्रमाचें अनावरण केलें. हो अभिनव उपक्रम पेडल व्यायामा वेळार निर्माण जावपी स्नायूंच्या उर्जेतल्यान वीज तयार करतलो, जाचो वापर ल्हान इलॅक्ट्रॉनीक गॅझेटींक चार्ज करपाक जातलो. हाका लागून शारिरीक फिटनेसांतय योगदान मेळटलें.

नॅशनल इन्स्टिटट्यूट ऑफ इंटरडिसिप्लिनरी सायन्स अँड टेक्नॉलॉजीच्या भांगरा महोत्सव सुवाळ्यांत उलयतना डॉ.प्रसाद हांणी सांगलें कि संस्थांनी सगळ्या गजालीं खातीर सरकाराचेर आदारून रावचें न्हय तर स्वताची नवनिर्माण पर्यावरण प्रणाली विकसीत करची.

45

सायबर हल्ल्याचो दर्यामळार ,राश्ट्रीय सुरक्षा आनी आंतरराष्ट्रीय संबंदांचेर जावपी परिणामा विशीं भारतीय नौदल फाल्यां नवी दिल्लींत परिसंवाद घडोवन हाडटलें. दर्यामळार सायबर धोक्यांची खोलायेन समजूत तयार करप आनी सायबर सुरक्षा वाडोवपा खातीर आनी राष्ट्रीय सायबर सुरक्षा मुद्रा घटमूट करपा खातीर मुखेल भागधारकां मदीं सहकार्य वाडोवप हो परिसंवादाचो हेतू आसा. सुरक्षीत सायबर स्पेस - दर्या - घटमूट करून प्रदेशांनी सुरक्षा वाडवपा खातीर मॅरीटायम इंडिया व्हिजन 2030 आनी अमृत काल व्हिजन 2047 दिकेन ह्या परिसंवादांत सायबर सुरक्षा, बंदराच्या फुडारपणा खाला वाड, स्मार्ट लॉजिस्टीक, ऑफशोर उर्जा सुरक्षा ,आनी मिशन-क्रिटिकल नौदल कार्यावळींचो एक मुखेल सक्षमकर्ता म्हूण स्थापन करपाचेर भर दिला.

भारतीय जनता पक्षान बिहारात जावपी वेंचणुके खातीर 12 उमेदवारांची दुसरी वळेरी जाहीर केल्या. मजगती  जनता दल युनायटेड पक्षान आयज 57 उमेदवारांची पयली वळेरीय जाहीर

केल्या.सध्या राज्य मंत्रीमंडळांत काम करपी मंत्र्यांक परत एक फावट वेंचणूक लढोवपाची संद मेळ्ळया.

एक कलोवणी आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचकाखातीर अर्ज मागयता. अर्जदार पदवीधर आसपाक जाय कोकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अर्जपावपाची निमणी तारीख 20 oct आसा. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे संपर्क साधचो

हवामान 15

भारतीय हवामान खात्यान आयज, केरळ, दक्षिण कर्नाटक, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकलतल्या काय वाठारांनी चड पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.

स्पोर्ट्स 25

मलेशियात चालू आशील्ल्या सुलतान ऑफ जोहोर कप हॉकीं सर्तीत भारतीय कनिश्ट दादल्यांचो पंगड ऑस्ट्रेलिये आड खेळटा. हो खेळ भारतीय वेळाप्रमाण सांजे स वरांचेर सुरू जाला .

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या. आमचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर